Panaji national

20 July 2025 6.30pm

प्रधानमंत्री

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी ह्या म्हयन्याच्या 23 ते 26 मेरेन युनायटेड किंगडम (युके) आनी मालदीव ह्या देशांक दोन राश्ट्रांच्या भेटीचेर आसतले. ह्या भोंवडेच्या पयल्या लेगांत श्री मोदी 23 ते 24 जुलय मेरेन ब्रिटनाक भेट दितले, ताचो ब्रिटन समकक्ष केयर स्टारमराच्या आमंत्रणा प्रमाण. हे भेटी वेळार प्रधानमंत्री मोदी भारत-ब्रिटन द्विपक्षीय संबंदांच्या पुराय गॅमाचेर प्रधानमंत्री स्टारमर हांचे कडेन व्यापक चर्चा करतले. तशेंच प्रादेशिक आनी संवसारीक म्हत्वाच्या प्रस्नांचेर विचारांचो आदान-प्रदान करतले.श्री मोदी महामहिम राजा तिसरो चार्ल्स हांकांय आपोवपाचे आसात. ह्या भेटी वेळार वेपार आनी अर्थवेवस्था, तंत्रगिन्यान आनी नवनिर्माण, संरक्षण आनी सुरक्षा, हवामान, भलायकी, शिक्षण आनी लोकां मदल्या संबंदांचेर खासा लक्ष केंद्रीत करून व्यापक रणनिती भागीदारीचे (सीएसपी) प्रगतीचोय नियाळ दोनूय वटांनी करतले

पावसाळी अधिवेश

संसदेच्या पावसाळी अधिवेशनाच्या आदीं संसदेच्या दोनूय सभाघरांचें काम सुचारूपणान चलचें हे खातीर सरकारान आयज सर्वपक्षीय बसका घेतली. अधिवेशन सुचारूपणान चलपा खातीर विरोधी पक्षांचो सहकार मागपा खातीर सरकारान ही बसका आपयल्ली. लोकसभा आनी राज्यसभेचें प्रतिनिधित्व करपी वेगवेगळया राजकी पक्षांचे फ्लोर लीडर हे बसकेक हाजीर आशिल्ले. केंद्रीय मंत्री आनी राज्यसभेंतलो सभाघर फुडारी जगत प्रकाश नड्डा हांणी अध्यक्षपद सांबाळळें आनी संसदीय वेव्हार मंत्री किरेन रिजिजू, संसदीय वेव्हार राज्यमंत्री अर्जुन राम मेघवाल आनी डॉ एल मुरुगन हाजीर आशिल्ले. ते भायर काँग्रेसीचे गौरव गोगोई आनी प्रमोद तिवारी, राकांपा-एससीपीचे सुप्रिया सुले, डीएमकेचे तिरुची शिवा, समाजवादी पक्षाचे राम गोपाल यादव, डीएमकेचे टी आर बालू आनी आपचे संजय सिंग हे बसकेक हाजीर आशिल्ले.फाल्यां सावन पावसाचें अधिवेशन सुरू जाता आनी तें 21 ऑगस्ट मेरेन चालू आसतलें. अधिवेशनांत दोनूय सभाघरांची

मंत्री राममोहन नायडू किंजारापू

हमदाबाद विमान अपघाता संबंदी विमान अपघात तपास ब्युरोच्या प्राथमीक अहवालाचेर आदारून खंयच्याय निश्कर्शाचेर उडी मारप अबुद्धीमान थारतलें अशें केंद्रीय नागरी विमानन मंत्री राममोहन नायडू किंजारापू हांणी सांगलें. निमाणो अहवाल येय मेरेन कसलीच टिप्पणी करप हो बरो व्यायाम न्हय.गाझियाबादच्या हिंडन सिव्हिल टर्मिनला वयल्यान धा नव्या वेवसायीक विमानांचें उक्तावण करतना केंद्रीय मंत्र्यान अस्तंती माध्यमांचेर खर टिका केली आनी ते उजवाडावपाचो यत्न करतात त्या प्रकारच्या लेखांत तांचो निहित स्वार्थ आसूं येता अशें सांगलें. भारतांतच ब्लॅक बॉक्स डिकोड केल्ल्या एएआयबीची ताणें तोखणाय केली.हिंडन टर्मिनला सावन देशांतल्या धा मुखेल शारांनी आयज थेट हवाई सेवा सुरू जाल्या अशें केंद्रीय मंत्री हांणी सांगलें. तातूंत बेंगळुरू, कोलकाता, वाराणसी, इंदौर, चेन्नई, अहमदाबाद, पाटना, गोंय आनी मुंबय हांचो आस्पाव जाता. आतां ह्यो सगळयो विमान सेवा थेट गाझियाबादांतल्यान मेळटल्यो, जाका लागून ह्या वाठारांतल्या प्रवाशांक दिल्ली विमानतळार आदारून रावचें पडचें ना. हिंडन टर्मिनला वयल्यान उड्डाण सेवा फकत एनसीआर वाठारा खातीर न्हय तर पुराय अस्तंत उत्तर प्रदेशा खातीर उदरगतीचें नवें दार उगडटलें अशें तांणी सांगलें.

एडफाल्सीव्हॅक्स

भारत एडफाल्सीव्हॅक्स नांवाची मल्टी स्टेज मलेरिया लस उमेदवार तयार करता. मनशाच्या संसर्गापसून राखण दिवपाचो हे लस तयार करपाचो हेतू आसून तेच बरोबर ह्या परजीवीचें वाहकांतल्यान जावपी समुदाय संक्रमण उणें करप. AdFalciVax ही पयली देशी पुनर्संयोजीत काइमेरी मलेरिया लस आसून ती खास करून मलेरियाच्या सगळयांत घातक प्रकाराक जापसालदार आशिल्ल्या प्लाझ्मॉडियम फाल्सीपॅरम ह्या परजीवीच्या दोन गंभीर पांवड्यांक लक्ष्य करपाखातीर तयार केल्ली आसा.भारतीय वैजकी संशोधन मंडळ – आयसीएमआर, जैवतंत्रज्ञान विभाग-नॅशनल इन्स्टिट्यूट ऑफ इम्युनोलॉजी (डीबीटी-एनआयआय) हांचे वांगडा भागीदारी करून सध्या ही मलेरिया लस उमेदवार तयार करता. लस तयार जावपाच्या पूर्वचिकित्सक पांवड्यार उत्कृश्ट कार्यक्षमताय दाखयल्या.

पीयूष गोयल

रोजगार निर्माण करपाक सायबर सुरक्षा म्हत्वाचेर भर दितना केंद्रीय वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी सांगलें की, हें फकत राष्ट्रीय सुरक्षा गरजेचें न्हय तर भारतांतल्या तरणाट्यां खातीर रोजगार आनी नवनिर्माणाचो मार्ग म्हणून पळोवंक जाय. कांडीवलींतल्या उपनगरांतल्या मुंबय हांगा प्रगत सायबर कुशळटाय केंद्राचें उक्तावण करतना मंत्री हांणी सांगलें, ह्या उपक्रमाक लागून डिजिटल अर्थवेवस्थेंतल्या कुशळटायेचें अंतर भरपाक मदत जातली आनी कुशळ मनीसबळाचें जागतीक केंद्र जावपाच्या भारताच्या ध्येयाक आदार मेळटलो. वर्साक सुमार एक हजार उमेदवारांक प्रशिक्षण दिवपाची अपेक्षा आसा,

बुद्धिबळ दिन’

जगभरात आज ‘बुद्धिबळ दिन’ साजरा होत आहे. याच दिवशी १९२४ साली जागतिक बुद्धिबळ महासंघाची स्थापना झाली होती. बुद्धिबळाच्या खेळाचा वापर समावेशकता, प्रशिक्षण, सक्षमीकरण आणि मानसिक स्वास्थ्यासाठी व्हावा या हेतूने महासंघाने हे वर्ष ‘सामाजिक भानासाठी बुद्धिबळ वर्ष’ म्हणून घोषित केलं असून या वर्षीचा विषय ‘प्रत्येक चाल महत्वाची’ असा आहे. बुद्धीबळाच्या खेळासारखाच, आयुष्यातला देखील प्रत्येक निर्णय आपल्या जीवनाला योग्य दिशा देऊ शकतो हे या बोधवाक्यातून दर्शवून द्यायचं आहे.